गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी गोंय

सरकारी पत्रक

विकास प्रक्रियेत अभियंत्यांचे योगदान म्हत्वाचे- श्री. कवळेकर

ता. 17 सप्टेंबर 2019

विकासाच्या क्षेत्रांत अभियंत्यांचे योगदान म्हत्वाचे आसून अभियंत्यांबगर साधनसुविधांचो विकास शक्य ना. अभियंत्यांनी नियोजीत विकासा खातीर योग्य आनी अचूक आराखडें तयार करपाची गरज आसा , अशें उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी काल पणजे विवांता हॉटेलात आयोजीत अभियंता दीस आनी भारतीय अभियंता संस्थेच्या गोंय फाट्याच्या शंबराव्या वर्सुकीं दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयतना सांगलें.

आमदार आनी गोंय राज्य फळबागायत महामंडळाचे अध्यक्ष श्री. प्रविण झांट्ये हेवूय ह्या कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले. तांणी ह्या वेळार उलयतना अभियंतें आनी आर्किटेक्टांनी विकास प्रक्रियेत सरकाराक सहकार्य करपाची मागणी केली. स्मार्ट सीटी प्रकल्पाचे मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. स्वयमदिप्त राय चौधरी हांणी शारांनी उदक, वीज, रस्ते, भलायकी आनी हेर साधनसुविधां उपलब्ध करपाच्या कामात खुप आडखळी येतात, म्हणपाचे सांगून ह्यो आडखळीं पयस करपा खातीर अभियंत्यांनी योगदान दिवपाची गरज उकतायली.

भारतीय अभियंता संस्थेच्या गोंय फाट्याचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत प्रभूदेसाय हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार सचीव श्री. अन्वर खान हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ 2019/586

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA
PHONE-0832-2422675